**मिलेट्स, आंबो आनी संगीत फेस्ताचें आयोजन**

ता. 11 मे 2023

गोंय कृशी म्हाविद्यालयान 14 मे 2023 दिसा एला ओल्ड गोवा हांगा मिलेट्स (भरड धान्य), आंबो आनी संगीत फेस्ताचें आयोजन केला. उत्सवात विंगड विंगड तरेची भरड धान्यां, आंबे आनी तांच्या म्हायतीचे प्रदर्शन मांडपात येतले. तशेंच भरड धान्यांपासून तयार केल्ले केक, बर्फी, पीठ आनी गोड पदार्थांचे स्टॉल्स आसतले. कांय प्रकारचे आंबे, आंब्यांची उत्पादनां आनी कलमां विकपाक उपलब्ध आसतली.

उत्सवात सहभागी जावप्यांक आंब्यांची कलमां तयार करप, बेनूल काडप, झाडाक लागपी किडीचेर उपाय करप, आंबे काडप आनी हेर म्हायती जाणून घेवपाची संद मेळटली. तशेंच घुमट, तबला, गीटार वादन आनी कोंकणी गीतां गांवपाचो कार्यक्रम जातलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/388

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.